पश्चिम क्षेत्राच्या विभागीय कार्यक्रम समन्वय समितीची बसका २८ आनी २९ जानेवारी २०२५ हे दोन दिस बाबोंळी हांगांच्या उच्य शक्ति प्रक्षेपकाच्या सभागारांत जाली.

हाँतूत महाराष्ट्र आनी गोंयच्या सुमार ३० कार्यक्रम प्रमुख तशेच कार्यक्रम अधिकाऱ्यांनी वाटो घेवन आकाशवाणीचे कार्यक्रम आनी हेर कार्यक्रम संबंधित विश्यांचेर चर्चा केली.

आकाशवाणी महानिदेशालयच्या वतीन उपमहानिदेशक (निती) श्री. दिपक जोशी आनी पश्चिम विभागाचे अपर महानिदेशक श्री. विश्वनाथ कंबलयाल, केंद्रिय विक्रय एकांशाचे उपनिदेशक श्री. रविंद्र खासनीस तशेंच आकाशवाणी मुंबई केंद्राचे कार्यक्रम प्रमुख श्री. शैलेश माळोदे हांणी समेस्तांक मार्गदर्शन केले. आकाशवाणी पणजीचे कार्यालय प्रमुख आनी उपमहानिदेशक (अभियांत्रिकी) श्री. सुनिल भाठीया हांच्या फुडारपणाखाला समेस्त आकाशवाणी पणजीच्या कर्मचाऱ्यांनी ही बसका करपा हेतान आपले योगदान दिलें.

सध्या पुराय दक्षिण गोयांत एक खाशेलें सांस्कृतिक आणि साहित्यीक वातावरण पातळ्ळा. पुराय दक्षिण गोय जिल्ह्यात वेगवेगळ्यो साहित्यीक आणि सांस्कृतिक कार्यावळी घडोवन हाडल्यात.

31 जानेवारी सावन फोंड्या म्हालात म्हालगडे मराठी साहित्यीक जयवंत दळवी जन्म शताब्दी महोत्सव सुरू जाला. राजीव कला मंदिरात जावपी ह्या तीन दिसांच्या महोत्सवात जयवंत दळवी हांच्या साहित्याचेर आणि जिविताचेर आदारिल्ल्यो कार्यावळी जातल्यो. सृजन संवाद गोवा हे संस्थेन हो महोत्सव घडोवन हाडला.

नामनेचे कोंकणी कवी सर्गेस्त मनोहरराय सरदेसाय हांचेय सध्या जन्म शताब्दी वर्स चालू आसा. त्याय निमतान गोयांत वेगवेगळ्या सुवांतानी कार्यावळी चालू आसात.

पर्यावरण मोग्यांक खोशेची खबर! दक्षिण गोयांतल्या आगोंद आणि गालजीबाग ह्या दर्यावेळार ऑलिव्ह रिडले कासवानी तातयां घालपाक सुरवात केल्या. काणकोण तालुक्यात ह्यो दोनुय दर्यावेळो येतात. ह्यो सुवातो कासव संवर्धन केंद्रा म्हणून जाहीर केल्यात. दर वर्सा दर्यांतले कासव थय तातयां घालपाक येतात. आगोंद हांगा अंदू १३ जाल्यार गालजीबाग हांगा ६ अशा एकूण १९ सुवातानी कासवानी तातयां घाल्यात. एकूण २ हजार २६ तातयां घाल्यात अशी माहिती रान खात्यान दीली. सध्या ह्या तातयांची राखण रान खात्याचे कर्मचारी करतात. या तातयांतल्यान पिलां भायर आयले उपरांत त्या पिलांक दर्यात सोडपाचे आसात.

मडगावकारांचो ग्रामदेव अशी जाची नामना आसा त्या श्री दामोदर देवाचो उत्सव दोन दिसां आदी मडगावां सुरू जाला. फातोर्डा हांगाच्या श्री दामोदर लिंग देवस्थानात बुधवारा सावन ह्या सुवाळ्याक सुरवात जाली. 1 फेब्रुवारी मेरेन हो उत्सव चालू आसतलो. त्या नीमतान धार्मिक कार्यावळी आणि नाटका सुरू आसात. बुधवारा ह्या देवळात श्री सत्यनारायण म्हापूजा जाली.

श्री रुद्रेश्वराची रथ मिरवणूकय फाटल्या सप्तकात पुराय दक्षिण गोयांत भोवली. भाविकांनी ह्या रथयात्रेक भक्तीभावान येवकार दिलो. दरेका गावात ह्या रथयात्रेक येवकार दितना आरती उवाळून आर्गां ओपलीं.

राश्ट्रीय हुतात्मा दिसाच्या फांटभुयेंर आयज राज्यापाल पी.एस .श्रीधरन पिल्लय, मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत, मुखेल सचिव वी. कैंन्डवेलु, विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव,वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी पणजे आझाद मैदानाचेर हुतात्मा स्मारकाक आर्गां ओपली.

आयच्या दिसाच महात्मा गांधीजींची हत्या जाली. महात्मा गांधी हांची विचारसरणी आयच्या तरणाट्या पिळगेन आत्मसात करपाक जाय. तशेंच देशाच्या स्वातंत्र्याखातीर ज्या सुटके झुजाऱ्यांनी बलिदान दिला तांचे विंशी आयच्या पिळगेक म्हायती आसपाक जाय अशें ह्यावेळार राज्यपाल पी. एस. श्रीधरन पिल्लय हांणी म्हणला.

जाल्यार गांधीजी हांणी देशाच्या स्वतंत्र्य लढ्यात केलो वावर, तशेचं देशाक नितळ दवरपाक, गांवगिऱ्या वाठारातल्या जनतेची उदरगत करपाच्य दिखेन महत्वाचे काम केला अशें मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी ह्यावेळार म्हणला.देशाक स्वातंत्र्य दिवपाक वावार केल्या सुटके झुजाऱ्यांक तांणी ह्यावेळार आर्गो ओपल्या.

आठवी यत्ता पास जांवन आय.टी. आय करपी विद्यार्थ्यांक धावी यत्ता पास जाल्याचो दर्जो ह्यानफुडे मेळटलो, तशेंच अशा विद्यार्थ्यांक सरकारी खात्यांनी एम.टी.एस पदाखातीर पात्र उमेदवार म्हण शिरीवेशक अर्ज करपाक मेळटले. तशेंच धावी पास जावन दोन वर्सां आय.टी.आय करपी विद्यार्थ्यांक बारावी यत्ता पास जावपा इतको दर्जो मेळटलो. हे विंशी सरकार काय दिसांनी परीपत्रक काडुन संबंधित औपचारीकता पुराय करतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री तशेंच शिक्षण मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या.

टाटा टेक्नोलोजिसच्या जोडपालवान बिचोली, म्हापसा, वास्को, काकोडा, तशेंच फार्मागुडीच्या आय.टी.आय चे नुतनीकरणाच्या कामाचो बुनयादी फातर वच्युअल पदध्तीन बसोवपाची कार्यावळ आयज पणजे आय.टी.आय केंदात जाली. त्यावेळार ते मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.

एप्रेन्टेशिप दिवन गोंयाच्या वेगवेगळ्या सरकारी खात्यांनी कितल्यास्याच जमांक रोजगार मेळाळा. हाका लागुन तांका कामाचो अणभव लेगीत मेळ्ळा आनी एक कामाचो एक बरो मनीसबळ तयार जाला अशें मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

आय.टी.आय अभ्यासक्रम पुराय करपी विद्यार्थायांक ह्यानफुडे जागतिक पावंड्याचेर नोकरीची संद मेळची म्हण गोंय सरकारान बी.वी. जी ह्या कंपनीकडे कबलात केला अशीय म्हायती मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार दिल्या. सुमार 200 कोटी रुपया खर्च करून पाच आय.टी.आय केंद्रांचे नुतनीकरण केला. टाटा समुहान हाचेखातीर 168 कोटी रुपयाची अर्थिक मजत केला अशी म्हायती मुखेलमंत्र्यान दिल्या.

राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाच्या (एनईपी) कार्यवाही खातीर नवें शिक्षणीक वर्स १ एप्रिल सावन सुरू करपाचो इतिहासीक निर्णय शिक्षण खात्यान घेतला. यत्ता सवी ते धावी आनी बारावेचे वर्ग एप्रिलांत सकाळीं ११.३० वरां मेरेन चलतले. १ मे ते ३ जून मेरेन गिमाळी सुटी आसतली. उपरांत ४ जून सावन आदले वरीं वर्ग सुरू जातले. शिक्षण संचालकान हे विशींचें परिपत्रक जारी केलां.

नव्या राष्ट्रीय शिक्षण धोरणा प्रमाण सप्तकाक शिकोवपाचीं ३६ ते ३९

वरां जावप गरजेचीं. हीं वरां भरून येवपाक एक तर शिक्षणीक दीस वाडोवचे पडटले वा शाळा/ विद्यालयांचो वेळ वाडोवचो पडटलो. शिकोवपाचीं वरां भरून काडपाक एप्रिलांत वर्ग घेवपाचो निर्णय जाला, अशी म्हायती सुत्रांनी दिली. १ ते ३० एप्रिल मेरेन सकाळीं ११.३० मेरेन वर्ग घेतिल्ल्यान शिकोवपाचीं वरां भरून येतलीं, अशेंय तांणी सांगलें. आदीं शिक्षणीक वर्स जुना सावन सुरू जातालें. हाका लागून निमाणी परीक्षा जाली काय विद्यार्थ्यांक एप्रिला उपरांत सुटी आसताली. म्हयन्या परस चड सुटी मेळटाली. आतां ही प्रथा बंद जातली. अंदूं णववे खातीर राष्ट्रीय शिक्षण धोरणाची कार्यवाही सुरू जाल्या. येवपी शैक्षणीक वर्सा सवी आनी धावे खातीर एनईपी लागू जातलें. धावेचो निकाल लागता म्हणसर यत्ता इकरावेचे प्रवेश प्रक्रियेक उशीर जाता. हाका लागून इकरावेचें शिक्षणीक वर्स ह्या वर्सा जुनातूच सुरू करपाचो सरकारान निर्णय घेतला. मजगती, कांय समाजसेवकांनी ह्या निर्णयाक विरोध केला.

भारतीय तटरक्षक दळाच्या अस्तंत विभागाच्या चार अधिकारी आनी एक नावीक हांकां तांची उत्कृश्ठ सेवा आनी शौर्य कामगिरी खातीर राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांचे हस्तुकीं प्रतिश्ठीत पदकां भेटोवन भोवमानीत केले.

भारतीय तटरक्षक दळाचे अतिरिक्त महासंचालक आनी पश्चीम दर्यादेगचे कमांडर अनिल कुमार हरबोला हांका तांचे खास सेवे खातीर तटरक्षक पदक भेटयलें. अनिलकुमार हरबोला हे फाटलीं ३६ वर्सां भारतीय तटरक्षक दळांत सेवा दितात. १९९९ त भारतीय तटरक्षक दळाच्या ताराबाई जहाजाचें नेतृत्व करतना दर्याच्या चाच्यांच्यो एक हजार बोटी धरिल्ल्यो. तांचे हे कामगिरी खातीर तांकां पदक दिवन भोवमानीत केले. उपमहानिरीक्षक अतुल जोशी हे फाटलीं २८ वर्सां तटरक्षक दळचे सेवेंत आसात.

तोखणाय करपा सारके सेवे मजगतीं दिल्ल्या म्हत्वाच्या योगदानाची दखल घेवन तांकां तटरक्षक पदकान भोवमानीत केले.

कमांडर अंशुमन रतुरी, सहाय्यक कमांडर मनीष सिंग, नाविक (खलाशी) समीर रंजन हांकांय तांच्या शौर्या खातीर तटरक्षक पदक भेटोवन भोवमानीत केलें. गुजरात, दमण आनी दीव, महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक, केरळ ह्या राज्यांचेर अधिकाक्षेत्र आशिल्ल्या तटरक्षक दळाच्या पश्चीम सीबोर्डाक तांचे कामगिरीचो अभिमान आसा. पांच पुरस्कार मेळप ही सीबोर्डा खातीर प्रतिश्ठेची गजाल.

नवे शिक्षणीक वर्स 2026-27 पसून दोन वर्सांचो M.Ed (Master of Education) अभ्यासक्रम आतां एका वर्सांचो जातलो. राष्ट्रीय शिक्षक शिक्षण परिषदेन (NCTE) हो निर्णय घेतला. एनसीटीईच्या निर्णया उपरांत बी.एड लेगीत एक वर्स जातलें अशें जाहीर जालें. हो निर्णय राष्ट्रीय शिक्षण धोरण 2020 खाला घेतला. 10 वर्सां उपरांत बी.एड अभ्यासक्रमांत बदल जाला. बी.एड अभ्यासक्रम 2014 मेरेन एक वर्साचो आशिल्लो, पूण आतां तो परतून सुरू जातलो. जाल्यार दोन वर्सांचो M.Ed अभ्यासक्रम 2026 वर्सा सावन एक वर्साचो जातलो.

शाळेचे उदरगतीत मुख्याध्यापकांची फुडारपण कुशळताय गरजेची आसा अशे शिक्षण उपसंचालक डॉ. उदय गांवकर हांणी सांगले. अखिल गोंय उच्च माध्यमिक प्राचार्य संघटणेन आयोजित केल्ल्या ' फुडारपण आनी प्रशासन' ह्या विषयावेल्या कार्यशाळेच्या उक्तावण सुवाळ्यात ते मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले. ही कार्यशाळा आयज पोन्ने गोंयां जाली. आपल्या संस्थेच्या उदरगतीत शाळेचे मुखेली म्हूण प्राचार्यांची जापसालदारकी म्हत्वाची थारता अशेंय गांवकर हांणी सांगलें. ह्या कार्यशाळेंत गोयभरातले ६० प्राचार्य वांटेकार जाल्ले. पारूल

विद्यापिठाचे उप कुल सचिव डॉ. पवन व्दिवेदी , चिंबल सरकारी माध्यमिक शाळेचे मुख्याध्यापक विशाल सिग्नापूरकर हांणी कुुशळ फुडारपण ह्या विशायचर वेगवेगळी सत्रां घेतली. उच्च माध्यमिक प्राचार्य संघटणेंचे अध्यक्ष प्राचार्य उमेश नाईक हांणी येवकाराचे उलोवप केले जाल्यार प्राचार्य अर्चना नाईक हांणी उपकाराचे उलोवप केले.